Panaji Regional 15th April 2025 7.25 am.

---

2140 चौखण मीटर सुवातीत पर्वरे आंबेडकार भवन गोंय सरकार उबारतले ,अशी घोशणा मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी केल्या .6 म्हयन्याभितर 10 कोटी खर्च करुन गोंय सरकार आंबेडकार भवनाचे काम सुरु करतले जाल्यार दोन वर्साभितर ह्या वास्तुचे काम पुराय जातले अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दिल्या . ते 134 व्या आंबेडकार जंयती निमतास शासकीय कार्यावळीत उलयताले. समाज कल्या खाते तशेचं गोंय अनुसुचित जाती आनी जमाती म्हामंडळाच्या जोडपालवान पणजे आंबेडकर गार्डनात ह्या कार्यावळीचे आयोजन केल्ले. सुरवेक मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी भारतरत्न डोक्टर बाबासाहेब आंबेडकार हांच्या पुतळ्याक हार घालुन आर्ग ओपली. ह्यावेळार समाज कल्याण खात्याचे मंत्री सुभाश फळदेसाय, राज्यसभेचे खासदार सदानंद शेट तानावडे, भाजप प्रदेशाध्यक्ष दामोदर नायक , तशेंच हेर मानेस्तांचे उलोवपा जाली. मुखेलमंत्र्याच्या हस्तुकी गुणवंत विद्यार्थ्यांचो तशेंच डोक्टर आंबेडकर सन्मान मुर्ती पुरस्कार जैतिवंताचे मुखेलमंत्र्याच्या हस्तुकी भौमान जालो.

---

गोंयच्या उजो पालोवपी दळाच्या जवानांक ह्या अर्थिक वर्सासांवन fire figting allowance दितले अशी घोशणा मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी केला. ते राश्ट्रीय उजो पालोवपी दळाच्या दिसाच्या कार्यावळीत मुखेल सोयरे म्हण उलयताले. गोंय उजो पालोवपी दळान 44 लाख रुपयाची मालमत्ता आतामेरन वाचयल्या. जाल्यार उजो पेटील्या घडणुकांनी

398 जणांचे जीव वाचयल्यात सी म्हायती तांणी दिल्या. बिल्डींग तशेच उद्देगिकांनी उजो पालोवपी यंत्रणा दवरची. उजो लागलो जाल्यार ती पालोवपाक ही यंत्रणा आवश्यक आसा,सुरक्षितितायेचे हे नेम काय जाण पाळीनात शे दिसुन आयला, अशे करप टाळचे आनी सुरक्षितितायेच्या नदरेतल्यान ही यंत्रणा चालीक लावची अशे आवाहन ह्यावेलरआ मुखेलमंत्र्यान केला. गोंयांत 11 तालुक्यांनी आपत्ती वेवस्थापनाच्या फांटभुयेर 11 थंय 350 कोटी रुपया खर्च करुन सरकारान निवारो केंद्रा उबारल्यात अशीय म्हायती तांणी दिल्या.तशेंच उजो पालोवपी दळाक लागपी सुसज्ज अशी यंत्रणा गोंयात आसा अशी म्हायती मुखेलमंत्र्यान ह्यावेळार दिला.

---

उदका पंदरसी निमतान १६ ते ३० एप्रील मजगती, राज्यातल्या सगळ्या सरकारी आनी अनुदानित शाळांनी जलशक्ती अभियानाखाला उदकाचे संवर्धन ह्या विशयाचेर कार्यावळी आंखच्यो अशें समग्र शिक्षा विभागाच्या प्रकल्प संचालकांनी कळीत केलां. ही उदकां पंदरस दर वर्सा मनयतात. सगळ्या शाळांनी, शिक्षणीक संस्थांनी विद्यार्थी, शिक्षक आनी पालक समित्यांनी ह्या कार्यावळींत सक्रीय सहभाग घेवंचो अशें समग्र शिक्षा अभियानाचे प्रकल्प संचालक डॉ. शंभू घाडी हांणी कळीत केलां.

---

रवींद्र भवन साखळी आनी गोवा कोकणी अकादमी हां च्या जोडपालवान साखळी रवींद्र भवनाच्या मनोहर बुवा शिरगावकर सभाघरात 18 ते 22 एप्रिल मजगती चार दिसांचो नाट्य महोत्सव आयोजित केला. या नाट्य महोत्सवाखाला कलाअकादमीच्या कोकणी नाट्य सर्तीत जैतिवंत जाल्ला नाटकांचे प्रयोग सादर जातले. या नाट्यमहोत्सवात 18 एप्रिल दिसा द इंसिडीयस, 19 एप्रिल दीस फायनल ड्राफ्ट, 20 एप्रिल दीस मीडिया जाल्यार 21 एप्रिल दिसा देवा महाराजा हे कोकणी नाटक सादर जातलें.

---

पणजी वेधशाळेनत नोंद केळल्या प्रमाण आयज उत्तर आणि दक्षिण गोयांत उष्णते पाटाळपाची शक्यताई आसा . आयज गोपयांत चंडांत चंद तापमान 35*c  आणि ऊनयात उणे 26*c तापमान आसा

---

संवसारांतल्या पयल्या क्रमांकाच्या बुध्दिबळांत काल फ्रांसांतल्या पॅरिसांत जाल्ल्या फ्रीस्टाइल बुध्दिबळ ग्रॅण्ड स्लॅम 2025 सर्तींत नॉर्वेचो मॅग्नस कार्लसन हाणें जैत मेळयलां. ताणें अमेरिकन ग्रॅण्डमास्टर हिकारू नाकामुरा हाका 1.5-0.5 अशी मॅची जिखून हारयलो. भारतीय ग्रॅण्डमास्टर अर्जुन एरिगायसीन फ्रांसाचो मॅक्सिमे व्हॅक्सियर-लाग्रेवाक 1.5-0.5 गूणांनी हारयलो .अर्जुन फुडल्या 17 एप्रीलाक ग्रेंक फ्रीस्टाइल ओपनांत खेळटलो.